The International Centre Goa

IDEAS UNLEASHED
ICG-Goa University Essay Competition 2020
Supported by
V. M. Salgaocar Institute of International Hospitality Education

V. M. SALGAOCAR INSTITUTE of INTERNATIONAL HOSPITALITY EDUCATION

IVth EDITION OF ICG-GOA UNIVERSITY ESSAY COMPETITION
(ENGLISH & KONKANI)

# THE CHALLENGES OF URBANISATION IN GOA

**प्रस्तावना**

शारीकरण हो उद्येगीकरण, अर्थीक वाड आनी सुबत्ता हांचो आडावंक नजो असो परिणाम जावन आसा. सन **1800**त, **90%** संवसार ग्रामीण वाठारांत रावतालो. तेन्ना सावन, संवसारीक स्तरार तशेंच एकट्क्या देशांतूय शारी लोकसंख्येचो वांटो सातत्यान वाडटेर आसा. आज, जगांतले **55 %** लोक शारी वाठारांत रावतात. तरीकूय, विविध खंडांनी तशेंच देशांनी शारीकरणाचो *वेग* आनी *वेळ* हातूंत लक्षवेधक तफावत आसा. बऱ्याच विकसनशील देशांनी, शारीकरणाचो वेग **20**व्या शेकड्यांत, म्हळ्यार **1950**च्या दसका इतल्या कळावान लेगीत, वाडूंक पाविल्लो. आज, उत्तर अमेरिका खंडांतले देश तशेंच लॅटिन अमेरिकन देश सगल्यांत चड शारीकृत आसून तांचे **80%** लोक शारी वसत्यांनी रावतात, जाल्यार युरोप तांचे परस मात्शेंच फाटीं आसून, थंयचे **75%** लोक शारी वाठारांत राबितो करतात. आशिया खंडांत शारीकरणाचो स्तर खुबूच सकयल आसा; आनी आफ्रिकेंत तर तो अदीकूच सकयल, म्हळ्यार **50%** सुमार आसा. फुडल्या दोन-तीन दसकां मजगतीं शारीकरण, अदीक पैस पैस पातळटलें आनी संवसाराच्या शारी लोकसंख्येंत लक्षणीय वाड जातली. **2050** मेरेन**,** शारीकरणाचो वांटो **68%** मेरेन वाडुंये असो कयास आसा. लागींलागीं **2.5** दशलक्ष वा अदीक लोक शारी वाठारांत रावतले. हातूंतली **90%** आड आशिया आनी आफ्रिका हांगा जावपी बदलांक लागून जातली. तीन देश --भारत, चीन आनी नायजेरिया–संवसारीक शारी लोकसंख्येच्या अदमाशी वाडीच्या **35%**चे भागीदार आसतले; ज्यांचे मदल्या **416** दशलक्ष शारी रहिवाशांची भर फकत एकलो भारत देशच घालतलो.

**भारतांतलें शारीकरण**

1901त पुराय भारतियांमदले फकत 10.8% लोकच शारांत रावताले. अशें आसलं तरी, शारीकरणाचो वेग 1920 सावन वाडूंक लागलो आनी 31% भारतीय लोकसंख्या आज शारी आसा. 2019 सावन 2025 मेरेन, संवसारांतल्या 20 सर्वाधीक वाडपी शारांमदलीं 17 भारतांत आसतलीं आनी बंगलुरू, हैदराबाद आनी चेन्नय ह्या प्रक्रियेंत फुडें आसतलीं, असो अदमास उक्तायिल्लो आसा. 2028 मेरेन, दिल्ली संवसारांतलें सर्वाधीक लोकसंख्येचें शार जातलें. एक दशलक्षापरस अदीक लोक आसपी शारांनी भारतांतली 40% परस चड लोकसंख्या रावतली.अशे तरेचीं 53  शारां पयलींच आसात आनी 2021 वर्सा म्हणसर, तांचो आंकडो 68 मेरेन वाडटलो.संवसाराच्या हेर भागांतल्या शारांक जशें "वाड-उदरगतिचीं इंजिनां" (engines of growth) म्हणप खरें थारलां, तशेंच एक दशलक्षा परस चड लोक आशिल्ल्या भारतीय शारांक तें म्हणप लागू जाता.

सुधारणा घडोवन हाडून, शारीकरण सामान्य मनशांच्या जिवितांत गुणात्मक बदल करता. शारां आनी विशाल शारी केंद्रां हीं उच्च स्तराच्या अर्थीक गतिविधिंचीं थळां आसतात, आनी तीं रोजगाराच्यो संदी, वाडीव आवक,  अदीक बरें शिक्षण,आनी हेर सुविधा प्राप्त करूंक मजत करतात. संवसारभर वयल्या स्तरार आशिल्लीं 780 शारां मेळून, सगल्या संवसाराच्या सुमार 60%  अर्थीक कार्याचो भार पेलतात असो अदमास आसा. तेच वांगडा, शारीकरणाक लागून, तरेकतरांचीं आव्हानां उप्रासतात; मागीर तीं राबितो, येरादारी, मुळाव्यो साधन-सुविधा, उर्जा, उदक, कायदो-वेवस्था, पर्यावरण, तिगोवणी, शासन, वा हेर आंवाठां संबंदीत आसूं. गिरेस्त देशांतलीं, अदीक करून विकसनसील संवसारांतलीं, जायतीं शारां आमच्या सामुदायिक वास्तवांतल्या  उत्तमांतल्या उत्तमाचें तशेंच हिणांतल्या हिणाचें प्रतिनिधित्व करताता आनी प्रदर्शनय घडयतात. देखीक, मायक डेव्हिसाच्या *प्लनेट ऑफ द सन* (सुर्याचो गिरो) ह्या सूचक माथाळ्याच्या पुस्तकांत आमच्या शारी भवितव्याचें कितें घडूंक शकता , हाचें बेसबरें चित्रण केल्लें आसा. सरसकटपणान, भारत तशेंच भारतीय लोक शारीकरणाचे भौतेक सगल्या तरेचे लाभ, कश्ट आनी आव्हानां दुबावाविरयत अणभवीत आसात.

**गोंयांतलें शारीकरण**

भारतीय जनगणनेच्या अनुसार, 62% लोकसंख्या शारी म्हूण वर्गीकरण जाल्लें गोंय हें भारतांतलें सर्वाधिक शारीकृत राज्य जावन आसा. गांवशारीकरणाचें (रुर्बनाय्झेशनाचें) म्हळ्यार गांव आनी शार हांचेमदल्या धारदार (खर) फरकांचें ल्हवुल्हवू अंधुक जायत वचपाचें गोंय हें बेसबरें उदाहरण आसा, ज्याका लागून खुबशा वसणुकांनी ग्रामीण तशेंच शारी गुणविशेशांचें संमिश्रण दिश्टी पडटा. गांव आनी शारां मदीं प्रत्यक्ष लागसाण, अदीक बरी संपर्कवेवस्था, वाडटी साक्षरताय, शारी राहणीमान आपणावप तशेंच अ-शेतकामती कामांनी जाल्ली वाड, हांकां लागून आदले ग्रामीण वाठार शारी वाठारांनी परिवर्तीत जाल्ले आसात. तरी लेगीत, उच्च दर्ज्याचें शारीकरण जावनूय, घडये आपल्या ल्हान आकाराक लागून, दशलक्ष वा अदीक लोक आशिल्लें एकूय शार गोंयांत ना. तरीकूय, गोंयचीं मुखेल शारां—वास्को (द गामा), मडगांव, पणजी, म्हापसा आनी फोंडें - तशेंच हेर व्हडल्यो वसणुको लेगीत, देशांतल्या हेर कडल्या व्हड शारां सारकींच वा समान तरेचीं आव्हानां अणभवतात—मागीर तीं येरादारी, राबित्या घरां, प्रदूशण जावं वा हेर खंयचींय जावं. तांतुतल्या तांतूंत, एक समृद्ध राज्य म्हूण, आपलीं आव्हानां पेलपाक, गोंयची स्थिती बरी आसा, पूण हे खातीर, सगल्यांपरस चड गरजेची गजाल म्हळ्यार, नव्यान उदेवपी शारी समस्यांचें अस्तित्व सरसकट सगल्या स्तरांचेर, निर्वाचित तशेंच अ-निर्वाचित अधिकाऱ्यांनी मानून घेवंक जाय. हाचें कारण म्हळ्यार, बिगर-सरकारी संघटनांचो (ऍन. जी. ओ.) तशेंच वेपारी गुटांचो आस्पाव आशिल्लो, नागरी समाज-कार्यकर्तो वर्ग कितलेय सुहेतुक आनी प्रभावकारी लेगीत आसलो तरी राज्याच्यो शारी समस्या यशस्वीपणान सोडोवपाचे दिकेन सरकारी कृतीचो पर्याय जावंक शकना.

**निबंदाचो विशय**

आय. सी.जी. तशेंच गोवा विश्वविद्यालया वरवीं आयोजीत *आयडियाज अन्लीश्ड* (पासमेकळे विचार) हे, महाविद्यालयां आनी विश्वविद्यालयीन विद्यार्थ्यांखातीर आशिल्ले, निबंद सर्तीचें हें चवथें आवर्तन जावन आसा. हातूंतलें पयलें 2014 वर्सा, दुसरें 2016 वर्सा आनी तिसरें 2018 वर्सा, आयोजीत जाल्लें. ह्या आवर्तनाचो विशय--"**गोंयांतल्या शारीकरणाचीं आव्हानां**"—गोंया खातीर, गोंयच्या नागरिकांखातीर तशेंच गोंयांक भेट दिवपी हेर सगल्यांखातीर, अत्यंत म्हत्वाचो आसा. बांदकाम करून उबारिल्ल्या सरभोंवतणांत, जावं भौशीक साधनसुविधा वा

घरबांदणी, लोकसंख्या प्रवाह/स्थळांतर आनी वाड; जावं, शारां आनी उपशारांची वाड आनी उदरगत, राज्यभर दृश्य तशेंच अदृश्य बदल घडत आसात. ह्या बदलांक सकारात्मक आनी न्हयकारात्मक परिणाम आसात आनी आसतले. हें लक्षांत घेवन, शारीकरणामुखावयलीं मुखेल आव्हानां खंयचीं आनी तीं कशे तरेन हाताळूंक आनी मेटूंक जातात हे संबंदीं वाचूंक, तपासूंक आनी कितें समजलां ताचेर बरोवंक  राज्यभरच्या महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांक आमंत्रीत केल्यात. शेकीं, हेर तरनाट्यांवांगडा ते शारीकरणाच्या चालंत प्रक्रियेच्या परिणामांत जियेतले. विद्यार्थ्यांच्यानी गोंयच्या शारीकरणान सामकारायिल्ल्या वा चड प्रखर केल्ल्या एक वा अदीक आव्हानांक वेंचून, तीं कशे तरेन राज्य/सरकार, सामान्य लोक, नागरी समाजीक संघटनां वरवीं हाताळप जाता, हाचेर लक्ष केंद्रीत करुंयेता. हीं आव्हानां आनी तांचे सामान्यांवयले परिणाम, विशिश्ट वर्ग, देखीक खुद्द विद्यार्थीगण, व्यापारी वर्ग, स्थळांतरीत, वा शेतकामती,कशे तरेन समजून घेतात काय आनी घेतात जाल्यार कशे, हें वेंचून  तांच्यांनी आपलें बरप करूंक जाता. हो विशय सोंपेपणीं, विशिश्ट आश्यसुत्रां, दिश्टीकोण आनी अर्थावणांच्या व्हड आवांठांत बसता देखून, हे सर्तींत विंगड विंगड विद्याशाखांचे विद्थ्यार्थी हातूंत वांटो घेवपाक प्रेरीत जातले, अशी आस्त आसा.

**वेंचीक संदर्भ**


-अहलुवालिया, इशेर जज. 2014. *ट्रान्सफोर्मिंग अवर सिटीज: पोस्टकार्ड्स ऑफ चैंज.* नवी दिल्ली: हार्पर कॉलिन्स.

- अहलुवालिया, इशेर जज आनी हेर (संपा).*अर्बनाय्झेशन इन इंण्डिया: चॅलेन्जिस, ऑपॉर्चुनिटीज ऍण्ड द वे फॉर्वर्ड. ऍन इंट्रोडक्सन टू द डाय्नॅमिक्स ऑफ ऑर्डिनरी टाव्न्स.* नवी दिल्ली: स्प्रिंगर इंडिया.

-*डाव्न टू अर्थ-htpp://www.downtoearth.org.in/.*

-शिवरामकृष्णन, के. सी. आनी हेर (संपा). 2007. *हॅण्डबूक ऑफ अर्बनाय्झेशन इन इंण्डिया.* नवी दिल्ली: ऑक्सफॉर्ड युनिव्हर्सिटी प्रॅस.

-युनायटेड नेशन्स, डी.ई.एस.ए./ पॉप्युलेशन डिव्हीजन. (United Nations DESA/Population Division).2018. *रिव्हीजन ऑफ वर्ल्ड अर्बनाय्झेशन प्रोस्पॅक्ट्स-* https://population.un.org/wup/.